प्रादेशिक खबरो राजश्री कामत

27.05.2025 @ 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दीता. हयो आसात काय मुखेल खबरो

राज्यांतल्या लोकां मेरेन पावपा खातीर आनी तांकां जोडपा खातीर राज्यपाल श्रीधरन पिल्लई " खुशाल कल्याण यात्रा" ह्या संकल्पने खाला फालया काय धार्मिक थळाक भेट दितले.
भारत सरकारच्या एसी अँड एबीसी अंतर्गत MANAGE ह्या हैदराबादच्या कंपनीच्या मार्गदर्शनाखाला नोडल प्रशिक्षण संस्था सुरू करपाक अधिकृत केला.
नुस्तेमारी क्षेत्राच्या उदरगतिक चालना दिवपाविशीचो खबरा विभागचो आयकात एक खास रीपोर्ट
खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय, योग ऑलिंपियाड 2025 खातीर गोंय राज्य पंगडांची निवड करपाक निवड चांचण्यो 30 मेक घेतले

DIP 110

2021 वर्सा राज्यपाल श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयचे राज्यपाल म्हणून पदभार घेतले उपरांत राज्यांतल्या लोकां मेरेन पावपा खातीर आनी तांकां जोडपा खातीर 'गोवा ग्राम संपूर्ण यात्रा', 'सैमिक दायज यात्रा', 'द्वीप परिचय यात्रा' आनी 'गोवा गिरियारोहण यात्रा' अशीं जायतीं यात्रां पुराय गोंय भरात हातांत घेतल्या. राज्यपालांनी हालींच नवी " खुशाल कल्याण यात्रा" सुरू करपाची घोशणा केल्या, जी वेगवेगळ्या पवित्र थळांक भेट दितली. हे यात्रे वेळार राज्यपाल ह्या प्रार्थना स्थळांचेर प्रार्थना करता आनी गोंय आनी राष्ट्राची शांती, सुख आनी कल्याणा खातीर आशीर्वाद मागतात राज्यपाल पिल्लई श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थान, बाळ्ळी, श्री निराकार देवस्थान, माशे लोलये, माणो-शोभा कला घर, माशे लोलये, हुतात्मा स्मारक, पैंगीण, श्री बेताळ देवस्थान पैंगीण, झमातुल मस्जिद, कुंकळ्ळी

आनी अवर लेडी ऑफ हेल्थ चर्च, कुंकळ्ळी  ह्या धार्मिक थळांक फाल्या भेट दितले.

Mahesh 70

भारत सरकारच्या कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्रालयान कृषी क्लिनिक आणि कृषी व्यवसाय केंद्र (एसी अँड एबीसी) अंतर्गत National Institute of Agricultural Extension Management, MANAGE ह्या हैदराबादच्या  कंपनीच्या मार्गदर्शनाखाला नोडल प्रशिक्षण संस्था सुरू करपाक  अधिकृत केला. हें प्रशिक्षण केंद्र साई नर्सिंग इन्स्टिटट्यूट, सांखळी, हांगा चलतलें. शेतकी पदवीधर आनी शेतकी संबंदीत डिप्लोमा धारकांक स्वताचे शेतकी स्टार्टअप सुरू करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर 45 दिसांचें प्रशिक्षण दिवप हो हे संस्थेचो हेत आसा. ऑनलायन अर्ज करपाक www.acabcmis.gov.in ह्या संकेत थळार पळोवचे

Fishery 20

सरकार नुस्तेमारी क्षेत्राच्या उदरगतिक चालना दिवपाक जायत्यो योजना चालिक लायतात.  आता आयकात आकाशवाणी पणजीन ह्याच संदर्भात तयार केल्लो मानसी चंदगडकर हाणी धाडिलो  हो  खास रिपोर्ट ( byte)

सुभाष 150

सरोजनी दामोदरन फावंडेशन ह्या आप वावूरपी संस्थेन अर्थिक नदरेन मागाशील्ल्या हुशार गोंयकार विद्यार्थाखातीर शिष्यवृत्ती येवजण जाहीर केल्या. 'विद्याधन गोवा' ह्या नावान ही येवजण गोंयात चालीक लागतली. ह्या येवजणेखाला देशभरात  आतामेरेन ५१ हजार शिश्यवृत्ती दिल्यात. विद्याधन शिश्यवृत्ती पात्रताय मेळोवपाक धावेची परीक्षा ७५ टक्के वा चड गुणांनी पास

जावपाक जाय. ज्या पालकांची वरसुकी येणावळ ४ लाखा परस उणी आसा ते वियार्थी ह्या येवजणे खातीर पात्र थारतले.

सुशांत 170

मडगावच्या वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर चर्चा करुन उपाय काडपाखातीर आयज मडगांवां दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयांत अतिरिक्त जिल्होधिकारी रमेश गांवकार हांच्या अध्यक्षतेखाला बसका जाली. हे बसकेंत मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत, नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार आनी संबंदीत अधिकारी हाजीर आशिल्ले. मडगावात पांच सुवातो सकयल्या वाठारांनी आसात. त्या सुवातींनी गटाराचे उदक व्हावून व्हरपी पायपलायन बसोवप शक्य ना. तेखातीर ताचेर उपाय म्हणून नवे तंत्रज्ञान वापरुन ही पायपलायन घालतले अशी म्हायती कामत हांणी दिली. हे खातीर मुंबयच्या एका कंपनीन नवे तंत्रगिन्यानाची रचना केल्या. हे कंपनीन सर्वेक्षणूय केलां आनी फुडल्या आठ दिसांत खर्चाचो अदमास तयार करून जूनाच्या पयल्या सप्तकांत गटार खात्याक सादर करतली. ते उपरांत कामा खातीर निविदा जाहीर करतले अशें कामत हांणी सांगलें.

सुभाष 100

मोसमी पावस जरी बेगीन आयलो तरी शेतकारांनी शेतकी लागवडीखातीर आपले पारंपारीक वेळापत्रकच पाळचे अशे शेतकी खात्यान मागला. पावस बेगीन सुरू जाला म्हूण आताच नांगरणी आनी नियोजन करप फायदेशीर दिसूं येता, पूण सदचे परस बेगीन भाताची पेरणी करत जाल्यार पिकावळीचेर आनी उत्पन्नाचेर वायट परिणाम जावंक शकता अशी शिटकावणी शेतकी संचालकांनी दिल्या. शेतकी खात्याच्या सुत्रां प्रमाण सध्या सुमार ३१,००० हेक्टर वाठारात भाताची लागवड जाता आनी केन्ना केन्नाय हो वाठार ३६,००० हेक्टर मेरेन वाडटा. पूण ओंदू मोसमा आदल्या सुमाराभायल्या पावसाक लागून भातशेत पिकाचेर बरोच परीणाम जाला.

ह्या पावसांक लागून सांगे आनी धारबांदोडा तालुक्यात सुमार ५० हेक्टरां वयर भाताचे पिकावळीचेर परिणाम जालो असो मुळावो अदमास आसा.

सुशांत 75

मडगावच्या रवीन्द्र भवनातले पाय तियात्रिस्त सभाघरात दुरुस्तीचे काम हातात घेतिल्ल्यान ते आता १५ जूनमेरेन बंद आसतले अशी म्हायती रवीन्द्र भवन मडगावचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी दिली. सध्या रवीन्द्र भवनाच्या सभाघराच्या पाश्टाची दुरुस्ती चालू आसा. १ जूनमेरेन ती दुरुस्ती पुराय जातली अशें ह्या आदी कळीत केल्लें. मात पावस पडिल्ल्यान हे दुरुस्तीचे काम लांबला. पावसाच्या वेळार ही दुरुस्ती हातात घेतली जाल्यार ह्या सभाघरात उदकाची गळटी सुरु जावं येता त्याखातीर हे दुरुस्तीचे काम फुडें व्हरपाचो निर्णय घेतला अशें तालक हांणी सांगलें.

सुशांत 90

शेल्डे आनी कुंकळ्ळी हांगाच्या उपवीज केंद्रांची वर्सुकी देखरेख आनी दुरुस्ती तशेंच 220 केव्ही आंतरराज्य आनी आंतरराज्य वीज लायनीची वर्सुकी देखरेख आनी दुरुस्ती आयतार १ जूनाक दवरल्या त्या दिसा सकाळी ७ ते दनपरां ३ वरांमेरेन दक्षिण गोंयांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी वीज पुरवण बंद आसतली. वीज खात्यान दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण, काणकोण, साश्टी, सांगे, केपे ह्या तालुक्यातल्या सगळ्या तर धारबांदोडा तालुक्यातल्या किर्लपाल, दाभाळ, शिगांव, कुळे, मोले आनी फोंडे तालुक्यातल्या पंचवाडी ह्या वाठारांनी वीज पुरवन बंद आसतली. मात साश्टी तालुक्यांतल्या राय, कुडतरी, लोटली, माकाझान, वेर्णा, माजोर्डा तशेंच पुराय मुरगांव तालुक्यांत वीजेची पुरवण सदाभशेन चालू उरतली अशें वीज खात्यान कळयला.

DIP 220

खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय, योग ऑलिंपियाड 2025 खातीर गोंय राज्य पंगडांची निवड करपाक  निवड चांचण्यो घेतले.निवड चांचणे खातीर पात्रताय माध्यमिक शाळेंतल्यान यत्ता सहावी-आठवीतल्यान चार चले आनी चार चलयो आनी यत्ता नववी आणि धावीतल्यान चार चले आनी चार चलयो. चले-चलयांची निवड चाचणी 30 मे क सकाळीं 9.00 ते 10.00 मेरेन साखळीच्या बहुउद्देशीय सभाघरात जातली. सहभागी ज्या शाळेचे आपूण प्रतिनिधित्व करतात त्या शाळेचे नेमान नोंदणीकृत विद्यार्थी आसूंक जाय आनी निवड दिसा प्रभारी अधिकाऱ्याकडे आपलें शाळेचें वळखपत्र/खेळ कार्ड आनी 3 पासपोर्ट आकाराचे फोटो घेवन येवचे.चड म्हायती खातीर एग्नेस डायस दिवचल हांचे कडे 7057721016 नंबरार संपर्क सादचो.मजगती 21जुनाक भारतात 10 वो योग दिस मनयता. हे फाटंभुयेंर गोंयांत लेगीत  30 हजार सुवातीनी योग दिसांची कार्यावळ जातली. ग्रामपंचायत,नगरपालिका, शाळा, म्हाविद्यालया, सरकारी कार्यालया तशेचं हेर वाटारांनी 21 जुनाक योग दिसाच्यो कार्यावळी आयोजित जातल्यो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. सरकारी कर्मचार्यांनी लेगीत योग दिसाच्या कार्यावळीत वाटो घेवप सक्तीचे आसा i am karmayogi ह्या संकेतथलाचेंर वचुन योग दिसांत वाटेकार जावपाची नोंदणी सरकारी कर्मचार्यांनी करची अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सरकारी कर्मचाऱ्यांक सांगला.

हवामान 85

गोंयांत नोंद जाले कमाल तापमान 28 डीसी आणि किमान 25 DC. खुपशा सुवतिनि दडकानी पावस पडतलो आनी वराक ४०-५० किमी वेगान वारे व्हावपाची शक्यता आसा. ल्हारा 3.4 ते 3.8 उंचायेचेर वतली. नुसते मारपयांनी दऱयात वचचे न्हय अशे वेधशाळेन शिटकायला

आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो प्रादेशिक खबरो आयकात सकाळच्या 7.25 मिनिटांचेर. नमस्कार